प्रादेशिक खबरो     २४.०७.२०25   @ ७.20 pm

कोव्हीडाच्या काळा उपरातं आता  गोंयात  पयली बशेनुच  पर्यटक येवपाक लगाल्यात अशे पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.

पर्यटन थळांनी भोवपी आड  कडक  कायदो  चालीक  लायात  अशी मागणी   मायकल लोबो हांणी केली

नगर  नियोजन  खात्याचे प्रस्नाच्यो जापो दिनास्ताना   विशय न्याशत्यप्रविष्ट  आसा अशे सागुंन नगर  नियोजन खात्याचो मंत्री प्रस्नाक  जाप  दीवचे टाळता असो आरोप  करीत  विरोधकांनी आयज  सभाघरात  बोवाळ घालो.

वेबावरस  आशिल्लोय  जमनि  सरकार  लाटपाक  सोदता  असो आरोप   कॉंग्रेसीचे  ज्येष्ठ  आमदार   कार्लुस  फरेरा  हांणी केलो.   मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी हांणी हो  आरोप न्हंयकारलो.

भलायकि  मंत्री  विश्वजीत राणे हांणी गुंगी दिवपी विभागय सुपर स्पेशेलिटी  हॉस्पिलात  दवरचो अशी मागणी संकल्प  आमोणकार हांणी केली .

Rashmi 170

गोंयांत येवपी पर्यटकाचो  आकडो  उणो जांवक  ना.  कोव्हीडाच्या काळात   गोयांत   येवपी  पर्यटकांचो  आकडो  देविल्लो  खरो मात  कोव्हीडाच्या काळा उपरातं आता  गोंयात  पयली बशेनुच  पर्यटक येवपाक लगाल्यात अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे  हांणी दिली. हे

शिवाय रस्तो, रेल्वे, तशेचं उदका मार्गावरवीय पर्यटक येतात, तांची आकडेवारी सध्या तरी पर्यटन खात्याकडे ना.गोंयच्या दोन्ही विमानतळावेल्यान सध्या दर दिसा १८० विमाना यो वच करतात अशीय म्हायती ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिली कळंगुटचो आमदार मायकल लोबो हांणी गोंयातं येवपी पर्यटकांचो आकडो देवला, ही परीस्थिती सुधारपाक गोंय पर्यटन खात्यान किते पावला उबारल्यात काय असो प्रस्न पर्यटन खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांका केल्लो. पर्यटन थळांनी भोवपी दलाल पर्यटकांक हायस दाखोवन २० -२५ हजाराची पॅकेजी दिवन तांका लुटतात, तशेच पुलिसांनी ह्या दलालांक फायन मारल्यार कायच न्ही कशे भरतात, ताचे आड कडक कायदो चालीक लायात अशीय मागणी ह्यावेळार मायकल लोबो हांणी केली. तशेचं युरेपियन पर्यटकांकडे गोंयाकडे येवपाक आर्कर्शित करपाक visa on arrival तशेंच digital nomad विसा सेवा सुरु करात, हे विंशी गोंयच्या पर्यटन मतदारसंघ खास करुन दर्यादेग पर्यटन वाठारा आशिल्लया लोकप्रतिनिधीचे शिश्टमंडळ केंद्र सराकराकडे व्हरुन हो विशय सुटावो करचो अशीय मागणी ह्यावेळार मायकल लोबो हांणी केला.

रश्मी 160

नगर नियोजन खात्याचे प्रस्नाच्यो जापो दिवच्या बदला हे विशय न्याय प्रविष्ट आसा अशी निमता सागुन नगर नियोजन खात्याचो मंत्री विधानसभेत विचारील्ला प्रस्नाक जाप दीवचे टाळता असो आरोप करीत विरोधकांनी आयज प्रसनोतराच्या वेळार सभाघरात बोवाळ घालो. नगर नियोजन कलम ३९ ए ह्या

विशयाचेर विरोध पक्ष फुडारी हांणी विचारील्या प्रस्नाक जाप दींवक नाशिल्लान उपरांत सभाघरात वातावरण तापले. विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमावा सयत कार्लोस फरेरा, आमदार वेन्जी विएगश, विरेश बोरकार, क्रुज सिल्वा, विजय सरदेसाय, हांणी सभापतीच्या आसना मुखार वचुन पयली प्रस्नाच्यो जापो मंत्र्यान दिवच्यो म्हणीत बोवाळ घालो. जाल्यार मंत्री विश्वजीत राणे हांणी परत एकदा विशय न्यायप्रविश्ट आशिल्लयान जाप दिंवक शकना अशे म्हणुन विरोधकांनी मागणी अमान्य केल्ली. उपरात विरोधकांनी सभापती आसनामुखार दिमयेर बसुन मागणी मान्य करची अशे म्हणीत सभाघरात बोवाळ वाडयलो. विरोधकांच्या ह्या बोवाळान सभाघराचे कामकाज चलोवपाक दिना म्हण उपरात सभापती रमेश तवडकार हानी सभाघर १० मिनिटाखातीर स्थगित केले. जाल्यार १ मिनिटा उपरांत सभाघराचे कामकाज परत सुरु जातकच विरोधकानी सभाघराचे कामकाज चलोवपाक दिवचे अशे सागुंन विरोधकांची समज सभापतीन काडले उपरातं कामकाज सुरु जाले.

रश्मी 100

गोवा राज्य कला आणि संस्कृती संचालनालया वतीन रविंद्र भवन, काणकोणा पांच दिसांचे बहुभाषीक नाट्योत्सवाचे आयोजन करतले. पश्चिम क्षेत्र सांस्कृतिक केंद्र, उदयपुर यांच्या सहकार्यान जावपी या महोत्सवात गोव्या सयत देशभरातल्यो नामांकीत संस्था, दिग्दर्शक, कलाकार आनी तंत्रज्ञ वांटेकार जातले.

या महोत्सवाचे उक्तावण येत्या शेनवारा 26 जुलै क सांजे 6.30क मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत यांच्या हस्तुकी जातले. अशी म्हायती

सभापती रमेश तवडकार हांणी पर्वरे घेतील्ल्या पत्रकिर परीशदेवेळार दीली.byte

ते उपरांत या महोत्सवात मराठी, हिन्दी नाट्यकृती तशेच तियात्र पळोवपाची सुवर्णसंधी गोमंतकीय रसिकांक मेळटली.

कला आणि संस्कृती संचालनालया वतीन कला आणि संस्कृतीचे जतन आणि संवर्धनाक वेगवेगळे उपक्रम तशेच नाट्यविषयांशी उपक्रम राबयतात. ताचोच एक भाग म्हणुन हा नाट्यमहोत्सव या वर्सा काणकोणा जाता

रश्मी १६०

वारस नाशिल्लया मालमत्तेच्या कायद्याक लागुन विरोधकांनी आयज सभाघरात बोवाळ घालो. वेबावरस आशिल्लोय जमनि सरकार लाटपाक सोदता असो आरोप कॉग्रेसीचे ज्येष्ठ आमदार कार्लुस फरेरा हांणी केलो. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आमदार फरेरा हांणी केल्लो हो आरोप न्हंयकारत आमदार फरेरा सरकाराची बदनामी करता अशे म्हणले. जमनि लाटपी प्रकरणा लक्षात येतकच सरकारान SIT स्थापन करुन जमिन पडप प्रकरणा आड कडक कारवाय केल्यात. SIT वरवी आजुन मेरेन २२ प्रकरणाचो तपास पुराय जाला. जाल्यार ३० प्रकरणा चलता. आजुन मेरेन ४१ जणांक अटक केला. जे दोशी थारल्यात तांचेंर कारवाय लेगीत केल्या. सरकार जमनी लाटपाक सोदता ह्या आमदार फरेरा केल्लया आरोपात कांयच तथ्य ना अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

आमदार निलेश काब्राल हांणी लक्षवेधी सुचनेवेळार बेवारस तशेंच विदेशात काम करपी गोंयकाराच्यो जमनि सरकार लाटपाक सोदता अशे

म्हण एक व्हीडीयो व्हायरल जाता अशे लक्षवेधी सुचनेवेळार सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले . ह्यावेळार महसुल मंत्री बाबुश मन्सेरात हांणी आमदार कार्लुस फरेरा हांणी एका व्हीडीयोतल्यान संबंधित आरोप केल्यात, पुण फरेरान केल्या हया आरोपात कांयच तथ्य ना, तो लोकांची दिशाभुल करपी व्हीडीयो अशे म्हणले.

रश्मी 140

ओटीझम आशिल्या दुयेतींक गोंय वैजकीय म्हाविदयालयात उपचार घेतना सध्या गुंगी घेवपाक GMCच्या पोरण्या बिल्डींगेत वच्चचे पडटा, उपरांत सुपर स्पेशेलिटी हॉस्पिटलात येवन फुडले उपचार घेवचे पडटा, जर ही गुंगी दुयेतीक लागली ना जाल्यार परत गुंगी घेवपाक पोरण्या GMCत वच्चे पडटा, आणि परत - परत यो वच- करप शक्य नासता, ताका लागुन भलायकि मंत्री विश्वजीत राणे हांणी गुंगी दिवपी विभागय सुपर स्पेशेलिटी हॉस्पिलात दवरचो अशी मागणी शुन्य वराक संकल्प आमोणकार हांणी केली. जाल्यार आमदार जीत आरोलकार हांणी रत्यार हेडगी गोरवा बसताशील्लयान अपघाताचे प्रमाण वाडला. गोरवा उक्ताडार सोडपी गोरवांच्या धनयाआड कडक कारवाय करची अशी मागणी केली. आमदार वेन्झी विएगश हांणी बाणावली मतदारसंघातल्या दर्यादेग वाठारा। soil erosionचो प्रस्न परत उप्रासुंक लागला हे सभाघराच्य नदरेक हाडुन दिले.

सालीगाव हांगा विजेचो टावर शेतात मात्येचो भराव घालून व्हेल्यान लोक भियेल्यात हाचे विशी आमदार कार्लोस फरेरा हाणी वीज मंत्री सुदिन ढवलीकार हांका विचारील्या प्रश्नाक ताणी जाप दिली

डेस्क 30

माननीय राज्यपाल  पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांका निरोप दिवपाक आज  त्यांच्या मूळ गावा, म्हणजेच केरळातल्या कालिकत हांगा वतले. त्यांच्या मूळ गावाक वचचे आदी  राज्यपाल "आर्थिक मदत वितरण" कार्यक्रमात सहभागी जाले

गणेश 80

फाटल्या ५ वर्सात राना खात्यान राज्यात २३ हजारांवेर झाडां कापपाक मान्यताय दिल्या. केंद्रीय राना मंत्रालयात रानाविशी जो अहवाल दिला, तातूत गोंयातलो  हरीत वाठार उणो जाला असो उल्लेख ना. हरीत वाठार वाडचो म्हूण उपाय येवजण्यो लेगीत तांणी सुचोवंक ना, राना खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी कार्लोस फेरेरा आनी विजय सरदेसाय हांका ही लेखी जाप दिली. हरीत वाठार उणो जाल्यान गोंयच्या सैमाचेर वा उदकाच्या साठ्याचेर कितलो  प्रमाणात परिणाम जाला, हे सांगप शक्य जावचे ना. सरकारान हाचो एजन्सीवरवी अभ्यास करूक ना, अशेय राना खात्याच्या मंत्र्यांनी सांगलें.

सुभाश 70

अखिल भारतीय भौतिक शास्त्र शिक्षक संघटणेच्या गोंय फाट्यांन राज्यातल्या भौतिक शास्त्र शिक्षकांखातीर भौतिक शास्त्र शिक्षकांक सक्षम करात ' ह्या विशयावेली एका दिसाची कार्यशाळा ८ ऑगस्टक सकाळी साडेणव ते सांजे साडेपाच मेरेन परवरे जातली. नामनेचे भौतिक शास्त्रज्ञ

पद्मश्री प्रा. एच. सी. वर्मा मार्गदर्शन करतले. सरकारी तशेंच अनुदानीत उच्च माध्यमिक विद्यालयातल्या सगळ्या भौतिक शास्त्र विशयाच्या शिक्षकांनी ह्या कार्यशाळेक हाजीर रावंचे अशें आवाहन अखिल भारतीय भौतिक शास्त्र शिक्षक संघटणेच्या गोंय फाट्यांची सचिव डॉ. रेश्मा रावत देसाय हांणी केलां.

सुशांत ६0

दवर्ली-दिकरपाल पंचायतीच्या वाठारात येवपी सुमार १७५ बेकायदेशीर बांदकामांच्या आड मुंबय उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण पंचायतीन नोटीस धाडल्या. दवर्लीचे सरपंच साईश राजाध्यक्ष हांणी ही म्हायती दिली. आयज सरपंच राजाध्यक्ष आनी हेर पंच वांगड्यां सयत ह्या बेकायदेशीर बांदकामांची पळोवणी केली. ही बेकायदेशीर बांदकामां आनी विस्तार घर मालकांनी स्वत: जावन मोडचे हेखातीर १० दिसांआदीं आमी तांकां नोटीस दिल्ली. त्या उपरांत परिस्थिती कशी आसा ते पळोवपाखातीर आयज पळोवणी केली अशें तांणी सांगलें.

सुशांत 50

सात वर्सां परस चड काळ दिसवड्याच्या कामार आशिल्ल्या कामगारांक हे फुडे अस्थायी कामगार म्हूण कामार घेवंचे अशे तरेचो निर्णय मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी घेतिल्ल्यान आयज केपे पालिकेचे बसकेत तांचे अभिनंदन करपाचो थाराव नगराध्यक्ष दीपाली नायक हांचे यजमानकेखाला मान्य केलो. ह्या निर्णयाक लागून केपे पालिकेत दिसवड्याचेर काम करपी उणेच ४० कामगारांक फायदो जातलो

स्पोर्ट्स 30

रेडीयनट स्पोर्ट्स क्लबान गोवा बॅडमिंटन असोसिएशनच्या सहकार्यान घेतलया राज्य पवड्यावेल्या मानांकन बेडमिनटन सरतीत 15 वरसा सकयलया चल्याच्या एकोडीत उमर शेख आणि अतींद्र गावकर हानी tr 17 वर्सा सकयलया सर्तीत अद्वैत बालकृष्णन आणि आरुष पावूस्कर हानी निमणी फेरी गाठली

IMD 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **28.5** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **23.4** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू अशे वेधशाळेन कळीत केला